# वस्तुसंग्रहालय खात्यावतीन लोक कला प्रदर्शनाचे आयोजन

ता. 8 जानेवारी 2025

गोंय सरकाराच्या वस्तुसंग्रहालय संचालनालयान बिहार वस्तुसंग्रहालय, पाटणा हांच्या जोड पालवान 10 ते 31 जानेवारी 2025 मेरेन आर्ट गॅलरी, संस्कृती भवन, कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा "सीता: बिहाराची कन्या" – "Sita: The Daughter of Bihar" ह्या विशयाचेर लोक कला प्रदर्शनाचे आयोजन केला. लोक कला प्रदर्शनाचे उक्तावण 10 जानेवारी दिसा सांजेच्या 4.30 वरांचेर पद्मश्री श्री. विनायक खेडेकर हांचे हस्तुकीं जातले. बिहार वस्तुसंग्रहालयाच्यो महानिर्देशक अंजनी कुमार सिंग, गोंय सरकाराच्या वस्तुसंग्रहालय संचालनालयाचे संचालक डॉ. वासू एम. उसपकर उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले. प्रदर्शन लोकांखातीर सकाळी 10.00 ते सांजेची 6.00 वरां मेरेन उकते आसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/31

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.